# तांत्रिक शिक्षण संचालनालयावतीन कोडिंग आनी रोबोटिक्स शिक्षणीक येवजणेची अंमलबजावणी

ता. 26 ऑगस्ट 2021

तांत्रिक शिक्षण संचालनालयावतीन कोडिंग आनी रोबोटिक्स शिक्षणीक येवजणेची अंमलबजावणी करपात येतली. संचालनालयान येवजणेची अंमलबजावणी करपा खातीर खास प्रकल्प देखरेख विभागाची स्थापना केल्या. येवजणेची अंमलबजावणी दोन टप्प्यात जातली. पयल्या टप्प्यात इयत्ता 6 वी , 7 वी आनी 8 वी च्या विद्‌यार्थ्यांखातीर आनी दुसऱ्या टप्प्यात हेर वर्गांखातीर येवजणेची अंमलबजावणी करपात येतली.

सरकार टप्प्या-टप्प्यान प्रत्येक शासकीय आनी अनुदानित शाळांनी सीटी/सीडी प्रयोगशाळा विकसित करतले. ह्या प्रयोगशाळांनी अत्याधुनिक डेव्हलपमेंट लॅब, डिझाईन स्टुडिओ, प्रोटोटाइप लॅब, 3 डी प्रिंटर, रोबोटिक सेट आऩी हेर सुविधा आसतल्यो. मनिसबळ तयार करपाखातीर प्रशिक्षण आनी कार्यशाळा लेगीत आयोजीत करपात येतल्यो. ह्या येवजणेचो भाग म्हूण जागरूकताय कार्यक्रम, कार्यशाळा, हॅकेथॉन, सेमिनार, कॉन्फरन्स, प्रमाणिकरण कार्यक्रम आयोजीत करपात येतले.

विद्‌यार्थ्यांक डिजिटल जगात आवश्यक आशिल्ली कुशळटाय आनी ज्ञानासयत सुसज्ज करप तशेंच तांची तर्कशास्त्र आनी संगणकीय विचारशक्त वाडोवप हे येवजणेचे उद्दीश्ट आसा. 21 व्या शतकातली म्हत्वाची कुशळटाय म्हळ्यार समस्या जाणून घेवप, उपाय काडप आनी तो मनीस वा मशीनावरवीं कार्यान्वित करप. राष्ट्रीय शिक्षणीक धोरण 2020 त गणितीय आनी संगणकीय विचारांक म्हत्त्व दिल्ले आसा, जे कोडी आनी खेळांच्या माध्यमातल्यान शिकोवप शक्य आसा, जेणे करून शिकपाची प्रक्रिया अदीक आनंददायक आनी आकर्शक जातली.

तपशीलवार EOI डॉक्युमेंट डाउनलोड करून घेवपाखातीर https://dte.goa.gov.in/ ह्या वेबसायटीचेर उपलब्ध आसा. हे. ईओआय सुपुर्द करपाची निमाणी तारीख 31 ऑक्टोबर 2021 आसा.

म्हा /सप/ ऑप / विगां/ 2021/731

--
Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji